# संविधान अपेक्षांचो दीपस्तंभ आनी आव्हांनातल्यान  वाटचाल करपाक मार्गदर्शन करता-राज्यपाल

ता. 26 जानेवारी 2026

संविधान न्हय फकत एक कायदेशीर दस्तावेज, जाल्यार न्याय, स्वतंत्रताय, समानताय आनी भावपणाच्या तत्वांचो जीवंत पुरावो आसा. तो अपेक्षांचो दीपस्तंभ आसा आनी आमकां आधुनिक आनी आव्हांनात्मक संवसारात फुडें मार्गक्रमण करपाक मार्गदर्शन करता, अशें गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी आयज ताळगांव पठारावयल्या गोंय विद्यापिठाच्या मैदानाचेर (हॅलीपॅड वाठारात) आयोजीत  राज्य पांवड्यावयल्या प्रजासत्ताक दीस सुवाळ्यात राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबोवन मानवंदना दिवन आनी संचलनाची पळोवणी केल्या उपरांत उलयतना सांगलें. .

फुडें उलयतना राज्यपालान म्हणलें, ह्या यादस्तीक वावराचो मुखेल शिल्पकार डॉ. बी. आर. आंबेडकर हांणी किर्तवंत राज्यघटनेच्या सभेच्या सहभागान विविधतायेत एकता राखप आनी ह्या म्हान देशाच्या प्रत्येक नागरिकाक सक्षम करपा खातीर आमकां ह्या रचणूकेची भेट दिली.

आयच्या ह्या प्रजासत्ताक दिसाच्या प्रसंगार आमी आमच्या स्वातंत्र्य सैनिकांक आनी हुतात्म्यांक अभिवादन  करूया, जांणी आमच्या देशाचे स्वातंत्र्य, एकजूट आनी एकात्मते खातीर म्हान त्याग केलो. तशेंच आयज आमी आमच्या सुरक्षेची खात्री दिवपी आमची सैन्य दळां, पुलीस आनी नागरी सेवांतल्या शूर दादले आनी बायलांप्रती कृतज्ञताय उक्तावया. तांची समर्पितताय आनी त्याग आमकां देशाच्या उदरगतीक योगदान दिवपाक प्रेरणा दिता,अशें राज्यपालान म्हणलें.

गोंयच्या प्रगतीचो नियाळ घेतना राज्यपालान म्हणलें, परकीय सत्तेतल्यान मुक्त जावन 1961 वर्सा गोंय भारतीय प्रजासत्ताक वेवस्थेत सामील जाले. तेन्ना सावन गोंयची प्रगतीशील राज्य म्हूण फुडें वाटचाल सुरू जाली.  गोंय राज्य आपली सोबितकाय, संस्कृती आनी लोकांमदल्या सलोख्या खातीर फामाद आसा. सध्याचे राज्य सरकार रस्ते, रेल्वे, विमानतळ, पूल अशों साधनसुविधां उपलब्ध करून गोंयची प्रगती आनी विकासा खातीर तोखणायेचो वावर करता. ह्या वर्सा पेडणे म्हालातल्या मोपाच्या मनोहर पर्रिकर विमानतळाक उत्कृश्ट डॉमेस्टिक विमानतळ म्हूण पुरस्कार फावो जाला, अशें राज्यपालान सांगलें.

राज्य सरकारची तोखणाय करतना राज्यपालान सांगलें, मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या फुडारपणाखाला गोंय राज्य  नेटान उदरगतीची कामां करता.  उत्कृश्ट सेवा आनी प्रशासनातल्यान गोंय हे स्वयंपूर्ण, आत्मनिर्भर राज्य करपाच्या उद्देशान गोंय सरकारान भारत सरकारच्या आत्मनिर्भर भारत-गरीब कल्याण कार्यक्रमाच्या धर्तेर "स्वयंपूर्ण गोंय" अभियान सुरू केला. गांवांची उदरगत करून ग्रामीण अर्थ वेवस्था सुदारप हो ह्या कार्यक्रमाचो एकमेव उद्देश आसा. प्रत्येक गोंयकाराच्या जीणेत परिवर्तन हाडून गोंय आत्मनिर्भर करपा खातीर सरकार अंत्योदय, सर्वोदय आनी ग्रामोदय तत्वाचेर काम करता. सरकारच्यो येवजणो/सेवा प्रत्येक नागरिका मेरेन पावोवपा खातीर थळाव्यो संस्था, सरकारी विभाग आनी स्वयंपूर्ण मित्रांच्या सहकार्यान विशेश उपक्रम राबोवपात येता, अशें राज्यपालान फुडें सांगलें.

गोंयचे लोक बऱ्या मनाकाळजाचे, शांत, मोगाळ आनी इश्टागत करपी स्वभावाचे आसात. गोंयांत विंगड विंगड समाजातले लोक सलोख्यान रावतात. अलोकीक सोबितकायेन गोंयांक संवसारातले फामाद पर्यटन स्थळ केला.  गोंय आकारान देशांतले एक ल्हान राज्य

आसले तरी देशांतले अदीक दरडोई येणावळ आशिल्ले राज्य आसा. गोंय हे भरभराटीचे राज्य जावन आसा. देशांत गोंयच्या आर्थिक उदरगतीचे प्रमाण अदीक आसा. गोंय राज्य रस्ते, रेल्वे, दर्या मार्ग तशेंच विमान येरादारी वरवीं मुखेल शारां आनी वेपार तशेंच वाणिज्य केंद्रांक जोडिल्लें आसा, अशें राज्यपालान सांगलें.

गोंय हे देशांतले नेटान उदरगत करपी राज्य आसा. सगळ्या वर्गांनी देशांतल्या सगळ्या राज्यांमदी गोंय उत्कृश्ट क्रमाकाचे राज्य आसा. देशांतल्या पयल्या तीन उत्कृश्ट राज्यांमदी गोंयचो आस्पाव जाता. साधनसुविधांच्या बाबतीत अकराव्या वित्त आयोगान गोंयांक उत्कृश्ट राज्य म्हूण जाहिर केला, अशेंय राज्यपालान सांगलें.

ह्या वेळार उत्कृश्ट प्रशासकीय सेवे खातीर राज्यपाला हस्तुकीं उच्च शिक्षण सचीव (आयएएस) श्री. प्रसाद लोलयेकर, पुलीस अधिक्षक (आयपीएस) अक्षत कौशल आनी प्रधान मुख्य रानपाल (आयएफएस) प्रविण कुमार राघव हांचो मुख्यमंत्री पुरस्कार भेटोवन सन्मान केलो.

प्रजासत्ताक दीस सुवाळ्याक मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, राज्यसभा खासदार श्री. सदानंद तानावडे, एडव्होकेट जनरल देविदास पांगम, पुलीस म्हासंचालक श्री. आलोक कुमार, आमदार, सरकारी सचीव, अधिकारी, स्वातंत्र्य सैनिक, विद्यार्थी आनी नागरीक उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/97

--

------------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.